**<u>गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश</u>**

ता. 17 जून 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "18 जूनाक वर्सूकीं मनोवपात येवपी गोंय क्रांती दिसाचे गोंयकारांखातीर खास म्हत्व आसा. 1946 वर्सा ह्याच दिसा स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी गोंयकारांक पोर्तुगीजांच्या सत्तेतल्यान गोंयाक मुक्त करपा खातीर लडपाचो कळकळीचो उलो मारिल्लो. तांणी मारिल्ल्या उल्यान अनेक गोंयकारांक राज्याच्या मुक्ती खातीर लडपाची प्रेरणा मेळ्ळी. शेवटी 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय पोर्तुगीजांच्या 450 वर्सांच्या परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जाले.

गोंय मुक्ती चळवळीचो काळ हो स्वातंत्र्य सैनिकांच्या म्हान त्यागाचे यूग आशिल्ले. अनेक स्वातंत्र्य सैनिक हुतात्मे जाले, जाल्यार शेकड्यांनी स्वातंत्र्य सैनिकांक हाल सोसचे पडले आनी तडीपार जावचे पडले. म्हत्वाचे म्हळ्यार गोंय मुक्ती लड्याखातीर देशाच्या हेर वाठारांतल्या लोकांनीय आपूण जावन योगदान दिले. आपल्या त्यागातल्यान गोंयकारांक सन्मानान जीण जगपाक आनी भविश्याखातीर स्वता नियोजन करपाचो मार्ग शक्य केलो, तांच्या उगडासाक आमी सगळ्यांनी आदरपुर्वक नमन करपाक जाय. आयचो समाज स्वातंत्र्य सैनिकांक मानसन्मानान वागयता हे चड म्हत्वाचे आसा.

गोंय क्रांती दिसाच्या ह्या प्रसंगार आमी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाक आनी धाडसाक अभिवादन करूया. हांव ह्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक राज्याच्या भरभराटी खातीर परिश्रम करपाक आनी राज्यातलो सामाजीक सलोखो, एकजूट आनी शांतीकायेखातीर समर्पित जावपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/307

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA